**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसानिमतान परबीं**

ता. 29 मे 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंय घटक राज्य दिसानिमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय घटक राज्य दिसाच्या ह्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या प्रत्येक नागरिकाक म्हजी काळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता, गोंय घटक राज्य दिसाची समस्त गोंयकारांक परबीं.

30 मे 1987 दिसा गोंयचें केंद्र शासीत प्रदेशापासून भारतीय संघराज्यांत रूपांतर जालें. घटक राज्य दीस गोंयच्या कीर्तवंत इतिहासातलो उगडासाचो दीस जावन आसा. 1987 वर्सा ह्याच दिसा गोंय भारतीय संघराज्याचे 25 वे राज्य जालें. गोंयची स्वतंत्र आनी वेगळीं वळख राखपा खातीर गोंयकारांनी आनी देशाच्या हेर वाठारांतल्या लोकांनी केल्ली चळवळ 30 मे 1987 दिसा यशस्वी जाली आनी त्या खातीर ह्या दिसाक इतिहासीक म्हत्व आसा.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी आमच्या राज्याचो फुडार घडोवपा खातीर अविश्राम योगदान दिल्ल्या असंख्य गोंयकारांच्या उगडासाक आर्गां ओपूया. तांणी आपलो श्रेश्ठताय, नाविन्य आनी आपुलकीचो वारसो फुडें व्हरपा खातीर दाखयिल्ली दूरदृश्टी, त्याग आनी चिकाटीचो आमी भोवमान करूया.

गोंय राज्यांन फाटल्या दशकांनी खास करून शिक्षण, भलायकी, साधनसुविधा अशां म्हत्वाच्या क्षेत्रांत तोखणाय करपा सारखी प्रगती केल्ली आसा. गोंय हे शांतीकायेची भूंय आनी ही परंपरा सांबाळून दवरपाचे स्रय गोंयच्या जनतेक फावता. गोंयांत साबार आकर्शणां आसात. राष्ट्रीय उद्दीश्टासयत राज्याक मजबूत लोकशाय परंपरेचो वारसो लाभिल्लो आसा. संवसारभरांतल्या विंगड विंगड वाठारांतल्यान लोक हांगा सैमीक सोबितकाय आनी सांस्कृतीक वारशाचो आनंद घेवपाक येतात. आमी ह्या वारशाचो सांबाळ करून गोंयांत येवपी पर्यटकांचो राबितो खुशालभरीत आनी उगडासात उरपा सारखो करपाची गरज आसा. राज्यांत नैतिक तत्वांच्या आदाराचेर पर्यटन क्षेत्राची प्रगती जातली हाची आमी खात्री करपाक जाय.

म्हाका सांगपाक खोशी जाता, की गोंय राज्यान साधनसुविधांच्या मळार म्हत्वाचे प्रकल्प उबारल्यात, देखीक मोपाचो संवसारीक दर्जाचो मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळ, जो सौर उर्जा प्रकल्प, पावसाच्या उदकाचो सांबाळ करपाचो प्रकल्प आनी आधुनिक सुविधा सयत सिव्हरेज प्रक्रिया प्रकल्प, 3-D Monolithic precast इमारत, दर्जेदार रस्ते, Robomatic hollow precast walls, 5G Compatible IT साधनसुविधां अशां आधुनिक तंत्रज्ञानाच्या शाश्वत साधनसुविधांच्या संकल्पनेचेर उबारला. जुवारी न्हंयेवयलो आठ लेनीचो नवो केबल स्टेड पूल हो आनीक एक म्हत्वाचो प्रकल्प जावन आसा. ह्या पुलाक लागून पणजी ते काणकोण मेरेनची येरादारी सुरळीत जावपाक मदत जाल्या.

तुमकां सगळ्यांक खबर आसा, देशांतल्या हेर राज्यांच्या तुळेन राज्याचे समाजीक-अर्थिक निर्देशांक खुप प्रभावी आसात. देशांत गोंयचे per capita income सगळ्यांत चड आसा, जे बळकट आनी निरोगी अर्थवेवस्थेचे लक्षण आसा. FIFA U-17 बायलां संवसारीक फुटबॉल सर्त आयोजना खातीरच्या भारतातल्या तीन सुवातां मदले गोंय हे एक केंद्र आशिल्लें.

G20 शिखर परिशदेचे कांय कार्यक्रमांचे आयोजन करपा खातीर गोंयची निवड जाल्ली आसा, जाची आमकां आमच्या राज्यांची समृध्द संस्कृती आनी सरबरायेची परंपरा दाखोवपाची संद मेळटली.

देशांतले सगळ्यांत चड पसंदीचे थळ आशिल्ल्या राज्यांतल्या ह्या कार्यक्रमाक लागून राज्याच्या अर्थवेवस्थेक बरी चालना मेळटली, जाका लागून आंतरराष्ट्रीय माचयेर गोंयच्या उत्पादनांचे ब्रँडिंग प्रदर्शीत करपाची संद मेळ्ळ्या.

राज्यांत सुरू केल्ल्या आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेची देशांतल्या नामनेच्या व्यक्तिंकडल्यान तोखणाय जाल्या. देशांतल्या हेर राज्यांनी स्वयंपूर्ण गोंय मोहिम हो एक उत्कृश्ट कार्यक्रम म्हूण अभ्यास केला, जो राज्यांच्या उदरगती खातीर बरो उपक्रम जावन आसा. सर्वसंपन्न राज्य करप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसा.

रोजगार निर्माण करपा खातीर MSME येवजणेखाला गोंयांत पलयो सागरी प्रकल्प स्थापन जाला. गोंयांत उद्देगीक गुंतवणूक आनी रोजगार निर्माण करपा खातीर प्रयत्न चालू आसात. तुयेंच्या इलेक्ट्रॉनिक उद्देगीक पार्कात उद्देग उबारपा खातीर प्रोत्साहन दिवपात येता.

धारगळ पेडणे हांगा आधुनिक आयुष हॉस्पिटल उबारून सरकारान राज्यांत आयुर्वेदाक प्रोत्साहन दिला.

हांगा हांव सांगपाक सोदता, की 15 जुलय 2021 दिसा हांवे गोंयचे राज्यपाल म्हूण पदभार स्विकारलो आनी त्या दिसा सावन हांवे समाजातल्या गरीब आनी गरजू लोकांमेरेन वचून तांच्यो समस्यां सोडोवपाचो यत्न करपाचे थारायिल्लें. राजभवन हे लोकभवन आशिल्ल्याचे सिध्द करपाखातीर हांवे आसरो घरां आनी वृद्धाश्रमांक भेट दिवन अर्थिक मदत भेटयली. थंय रावपी भुरगीं आनी जाण्ट्यांकडेन संवाद साधलो आनी तांकां राजभवनार येवपाचे निमंत्रण दिले. संवसारीक एड्स दिसा 40 एचआयव्ही बादीत भुरग्यांनी राजभवनार भेट दिली. अशां निश्पाप भुरग्यांविशीं कोणेच भेदभाव न करचो आनी तांका समाजाकडल्यान मदत मेळची, ह्या उद्देशान हो उपक्रम आयोजीत केलो. अशां उपक्रमांतल्या राजभवन हे सामान्य लोकांच्या मदती खातीर उकते आशिल्ल्याचो संदेश दिलो.

"गोंय ग्राम संपुर्ण यात्रा" यशस्वीरीत्या पुर्ण केल्या उपरांत हांवे गोंयच्या पुरातन आनी पोरण्या वारसा झाडांसंबंदी "गोंय सैमीक दायज यात्रा" सुरू केली. गोंयच्या साबार तालुक्यांनी आशिल्ल्या सुमार 31 वारसा झाडांची म्हायती करून घेतली. ह्या झाडांकडेन थळाव्या समाजाचे धार्मिक आनी सांस्कृतीक नाते आशिल्ल्याचें आनी लोक ह्या झाडांची शेकड्यांनी वर्सां सावन पुजा आनी सांबाळ करतात हे पळोवक मेळ्ळे. सैम आनी पर्यावरणासयत अशां झाडांचे म्हत्व लोक संस्कृती आनी सामाजीक जीणेकडेन जोडील्ले आसा. तशेंच हांवे पर्यटकांचे आकर्षण आशिल्ल्या गोंयांतल्या जुव्यांक भेट दिवपाक सुरवात केल्या, जेणे करून हांवे थारायिल्लें प्रमाण "गोंयची वारसा झाडां", "वामन वृक्ष कला" आनी "गोंयची सोबीत जुवीं" ह्या पुस्तकांतल्यान गोंयचो वारसो, संस्कृती आनी परंपरा जगामुखार हाडून गोंय हे म्हत्वाचे पर्यटन थळ म्हूण फामाद करपाक मदत जाली.

तशेंच हांवे जे युवक आपले पयले पुस्तक कोंकणी, मराठी, संस्कृत आनी हिंदी भाशेंत प्रकाशित करपाक सोदतात, तांकां प्रोत्साहन दिवपा खातीर "नयी पहल" नावान पुस्तक पुरस्कृत येवजण सुरू केल्या.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी गोंयचो उत्साह आनी खुशालकाय मनोवया. गोंय हे ह्या फुडेंय सपनां साकार जावपाची सुवात जांव, जंय प्रत्येक नागरीक आपली तांक वळखूपाक सशक्त आसतलो आनी लोकशाय, स्वातंत्र्य आनी न्यायवेवस्थेची मुल्यां मजबूत जातली. आमच्या उज्ज्वल भविश्याखातीर आमी एकवटान प्रयत्न करूया, जेणे करून गोंय प्रगती, ज्ञान आनी सलोख्याचे आदर्श उदाहरण थारतले.

गोंय घटक राज्य दिसाच्या ह्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव परत एकदा गोंयच्या म्हज्या सगळ्यां भावां-भयणांक परबीं आनी शुभकामनां भेटयता, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/443

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity


Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.